Panaji National News

16 May 2025,,, 6.30pm

## ज्ञानपीठ पुरस्कार

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज संस्कृत विद्वान जगद्गुरू रामभद्राचार्य हांकां 2023 वर्सा खातीर नवी दिल्लींत 58वो ज्ञानपीठ पुरस्कार दितात.जगद्गुरू रामभद्राचार्य आनी नामनेचो उर्दू कवी आनी गीतकार गुलजार हांकां 2023 वर्सा खातीर ह्या प्रतिश्ठीत पुरस्कारा खातीर वेंचून काडला. साहित्य मळारवय्ल्य  तांचें उत्कृश्ट योगदान खातीर हो पुरस्कार मेळ्ळा. ह्या वेळार उलयतना राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हन दोगांय साहित्यीक व्यक्तींक परबीं दिली. ह्या निमतान जगद्गुरू रामभद्राचार्य हांणी आपल्या साहित्यीक वावराक मान्यताय मेळ्ळ्या अशें सांगून हो पुरस्कार मेळ्ळ्या उपरांत खोशी उक्तायली.

## मंत्री राजनाथ

भारतान आंतरराष्ट्रीय चलन निधीक पाकिस्तानाक दिल्ले अर्थीक मजतीचेर परतून विचार करपाक सांगलां. पाकिस्ताना भितरल्या आतंकवाद संबंदीत मुळाव्या साधनसुविधांक आदार दिवपा खातीर निधीचो व्हडलो वांटो दितले अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंगान सांगलां. आयज दनपारां वायुसेना स्टेशन भुज हांगा एअर वॉरियर्सांक

संबोधीत करतना तांणी सांगलें, आयच्या काळांत पाकिस्तानाक खंयच्याय प्रकारची अर्थीक मजत दिवप आतंकवादाच्या अर्थीक पालवा परस उणी ना. ऑपरेशन सिंदूर वेळार भारतीय वायुसेनेन बेगीन आनी निर्णायक कृती केल्ल्याची तोखणाय श्री सिंगान केली आनी देशांत आनी परदेशांतल्या सगळ्या भारतीयांक अभिमान बाळगूंक मेळटा अशें सांगलें. पाकिस्तानांत आलाशिरो दिवपी आतंकवादी मुळावी बांदावळ मोडून उडोवपाक वायुसेनेक फकत 23 मिनटां लागलीं अशें श्री सिंग हांणी सांगलें. हे कारवायेक लागून आतंकवादाच्या आड खर संदेश मेळ्ळो आनी भारताची लश्करी तांक आनी तयारी दाखयली अशें तांणी भर दिलो. ऑपरेशन सिंदूरांत सशस्त्र दळान दुस्मानाचेर वर्चस्व गाजोवंकच न्हय तर तांचो नाश करपाकय येस मेळयलें अशें संरक्षण मंत्र्यान सांगलें. ऑपरेशन सिंदूर वेळार भारतीय लश्करान केल्ली प्रभावी भुमिका भारतांतच न्हय तर परदेशांतूय कदर जाता अशें तांणी सांगलें.भारतीय वायुसेनेन आदर्श धैर्य दाखयलांच पूण भारताच्या संरक्षण क्षमतेक नवे मापदंड थारायल्यात अशें संरक्षण मंत्र्यान सांगलें.

एच.डी.कुमारस्वामीन

तिख्या आनी जड उद्देग मंत्री एच.डी.कुमारस्वामीन आयज नवी दिल्लींत तिख्या मंत्रालयाची नवी संकेतथळ उक्ती केली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री कुमारस्वामी हांणी सांगलें, नव्यान तयार केल्ल्या संकेतथळा वरवीं सगळ्या भागधारकांक वेळार आनी म्हत्वाची म्हायती मेळटली.पारदर्शकता, सुलभताय आनी कार्यक्षमताय वाडोवपा खातीर तयार केल्ली ही संकेतथळ वापरप्यांक सोंपें संवाद,

वाडयल्ली सायबर सुरक्षा, आनी सुलभताये खातीर भारतीय सरकाराच्या संकेतथळां खातीर मार्गदर्शक तत्वां (GIGW) चें पालन करपाची खाशेलपणां दिता. संकेतथळाच्या मुखेल खाशेलपणां मदीं आधुनीक डिझायन, धोरण दस्तावेज, उद्देगीक डेटा, आनी उपक्रमां विशीं म्हायती हांचो आस्पाव जाता.ही संकेतथळ जायत्या भारतीय भाशांनी उपलब्ध आसा आनी भारतीय तिख्या उद्देगा विशीं व्यापक म्हायती दिता, तातूंत उत्पादनाची आंकडेवारी, धोरण अद्ययावत, आनी वेगवेगळ्या येवजण्यो आनी उपक्रमांचो तपशील आसपावीत आसा. तशेंच तातूंत परस्पर साधनां, डिव्हायसांतल्यान विनाशिल प्रवेशा खातीर प्रतिसाद दिवपी डिझायन आनी नेमान अद्ययावत आसपावीत आसात.

किशन रेड्डी

केंद्रीय कोळसो खण मंत्री आनी तेलंगना भाजपाचे राज्य अध्यक्ष जी किशन रेड्डी हांणी आयज सांगलें, भारतांत आतंकवादी कारवाय करून पाक व्याप्त काश्मीर सोडून पाकिस्तानांत आलाशिरो घेतिल्ल्या आतंकवाद्यांक पाकिस्तानान हातांत दितले तेन्नाच पाकिस्ताना कडेन उलोवणी शक्य जातली. हैदराबादांत प्रसार माध्यमां कडेन उलयत, जेन्ना ह्यो दोन अटी पुराय जाल्यो तेन्नाच उलोवणी शक्य जातली. ऑपरेशन सिंदूरांतल्या सैन्याक मेळिल्ल्या यशाचो भोवमान करपा खातीर फाल्यां हैदराबादांत तिरंगा यात्रा जातली अशें श्री रेड्डी हांणी जाहीर केलें.

## डेंग्यू दीस

आयज राष्ट्रीय डेंग्यू दीस.ते निमतान देसभरांत डेंग्यू दुयेंसाआड जागृताय कार्यावळी जाल्यो.जळारांसावन जावपी डेंग्यू दुयेंसाआड जागृताय कार्यावळी निमतान मार्गदर्शकी तत्वां जाहीर करतना भलायकी सेवा संचालनालयान पिवपाच्या उदकाचे टाकयेची झाकणा वेवस्थीत लावन घेवची,जनेलांक मच्छरदाणी लायात,मच्छरदाणीचो नेमान वापर करात,घरांत वा पोरसांत दवरिल्ल्या फुलांच्या वाझांच्या प्लेटिंतलें उदक बदलीत रावात,टायरांनी उदक साचपाक दिवंक नाकात,तशेंच ज़ोर आयल्यार लागींच्या भलायकी केंद्रां त रगताची तपासणी करून घेयात,रोखडोच आनी पुराय उपचार घेयात अशें सांगलां

## प्रतिनिधी मंडळ

ऑपरेशन सिंदूर उपरांत पाकिस्तान प्रायोजीत आतंकवादाचेर भारताची भुमिका मांडपा खातीर वेगवेगळ्या देशांनी बहुपक्षीय प्रतिनिधी मंडळ धाडपाची सरकाराची येवजण आसा. दरेका प्रतिनिधी मंडळांत सत्ताधारी आनी विरोधी दोनूय पक्षांतल्या खासदारांचो पंगड आसतलो अशी अपेक्षा आसा अशें सूत्रांनी सांगलें. संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजून ह्या राजनयिक आऊटरीच उपक्रमाचेर आपल्या पक्षाचे अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खगारे कडेन उलयल्यात अशें कॉँग्रेसीचे वरिश्ठ फुडारी जयराम रमेश हांणी नवी दिल्लींत पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें.